<u>प्रादेशिक खबरो</u>

02.02.2026 7.20 **pm**

- फोंणेचे खेळां संकुल सरगेस्त मंत्री रवी नायक हाचे नावान वळखतले अशे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगले
- पणजी शार म्हानगरपालीकेच्या 30 वॉर्डांखातीर 11 मार्च वेंचणुक जातली तर 7 म्हालातल्या वेगवेगळ्या पंचायतीच्या 14 प्रभागांखातीर पोट -वेंचणुका खातीर मतदान 8 मार्चाक जातलें
- मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांनी आज "हर घर उद्‌यम, हर गांव समरूध्द" मोहीम आनी पीएम सूर्य घर जागृताय कार्यावळ फोंडा हांगच्या राजीव गांधी कला मंदिरात सुरू केली

<u>प्रसाद/रश्मी 220</u>

फोंडाच्या खेळां संकुलाक सरगेस्त मंत्री रवी नायक हाचे नाव दिले. आयच्यान ह्या खेळां संकुलाक रवी नायक खेळां संकुल म्हणून वळखतले अशी म्हायती नांव दिवपाच्या सुवाळ्या उपरांत मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली. ह्या काऱ्यक्रमांत खेळां मंत्री रमेश तवडकर, एन आर आय आयुक्त नरेंद्र सावईकर, राजीव गांधी कला मंदिराचे अध्यक्ष रितेश नायक, नगरसेवक रॉय नायक, आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. सरगेस्त मंत्री रवी नायक हांचो वावर व्हड आनी तानी कुळ मुंडकार कायद्‌या खातीर सुरू केल्ल्या चळवळींतल्यान सामान्य मनशाक हक्क मेळ्ळे. राजकारण, समाजीक वावर हांचेकडेन ताचो खूब लागींचो संबंद आशिल्लो. ते स्वता एक उत्कृश्ट राजकारणी, समाजसेवक आनी उत्कृश्ट खेळगडे आशिले. फोंडाचो खेळां संकुल ताच्या दूर दृश्टीकोनाक लागून उभो रावला. अशे ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान सांगलें.**byte NAMING**

स्वर्गस्त मंत्री रवि नायक हांच्या लोककेंद्रीत फुडारपणाक आनी फोंडा वाठारांतल्या त्यांच्या उदरगतीच्या योगदानाचो हो भोवमान करपाचो सुवाळो अशेय तानी सांगले. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत स्टेडियमाची वर्सा भितर नुतनीकरण करपाची घोशणा केली. तशेंच ह्या संकुलांत सर**GE**स्त रवी नायक हांची मूर्त **6** म्हयन्याभितर स्थापन करतले अशे म्हणला.

ह्या वेळार उलयतना खेळां मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणलें, मंत्री रवी नायक हांचो वावर व्हड आसा आनी ताचो दरेक धाडसी निर्णय लोकांच्या मनांत सदांच याद उरतलो. तानी दर्जेदार मुळावी बांदावळ दिवन, तळागाळांतल्या खेळाडूक प्रोत्साहन दिवन आनी प्रतिभेच्या विकासाक आदार दिवन खेळां संकुल तरणाट्या खेळगड्यांक म्हत्वाचें केंद्र म्हूण काम करतलो अशी अपेक्षा उक्तायली.

<u>रश्मी 140</u>

पणजी शार म्हानगरपालीकेच्या **30** वॉर्डांखातीर **11** मार्च  वेंचणुक जातली अशें राज्य वेंचणूक आयोगान जाहीर केलां. जाल्यार **13** मार्चाक मत मेजणी बांबोळे श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियम हांगा जातली. अधिसुचीत वेळापत्रका प्रमाण **17** फेब्रुवारी ते **24** फेब्रुवारी मेरेन नामांकन अर्ज दाखल करपाक मेळटलें. जाल्यार **25** फेब्रुवारी मेरेन अर्जाचीं छाननी जातली, वेंचणुकेतल्यान फाटी सरपी उमेदवारांक **26** फेब्रुवारीक आपले अर्ज फाटीं घेवंक मेळटलीं, त्याच दिसा वेंचणुक लढोवपी उमेदवारांची निमाणी वळेरी उजवाडायतले . मतपत्रिका वापरून सकाळीं **8** ते सांजे **5** मजगतीं मतदा जातले. ह्या वेंचणुकेखातीर शाराच्या **30** वॉर्डांनी **48** मतदान केंद्रां स्थापन करतले. मतदारांची वळेरी एसआयआर प्रमाण ना कारण एसआयआर प्रमाण निमाणी गोंयची वेंचणूक वळेरी **21** फेब्रुवारीक जाहीर जातली अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयुक्त मिनिनो डीसौझा हांणी दील्या.**byte CCP**

<u>सुशांत 110</u>

समाजीक संदेश दिवपी कुटुंबीक तियात्र बरोवपा खातीर नामना मेळिल्लो बेतुल केपे हांगाचे नामनेचे लेखक, दिग्दर्शक आनी निर्माते क्रूझ पिंटो आयज मरण आयले. कांय भलायकेच्या कारणाखातीर राजस्थान हांगा उपचार करपाक व्हरतना तांका मरण आयले. ताच्या मरणान पुराय कोंकणी तियात्र मळार दुख्ख पातळ्ळां अशें गोवा तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांणी सांगलें.आपल्या सीपी प्रोडक्शनाच्या बॅनरा खाला काम करपी क्रूझ हाणी मनरिजवण आनी आत्मनिरीक्षण हांचो मेळ घालपी तियात्र सादर करून स्वता खातीर एक आगळी सुवात तयार केली. "शिक आयकपाक, आयक शिकपाक" "घातकी जुदास" हें तांचे लोकप्रिय तियात्र.

आग्नेल द बोरीच्या नाटकांत गायक म्हणून ताणें माचयेर प्रवास सुरू केलो, अभिनयांत वचचे पयलीं जायत्या निर्मितींत गितां सादर केलीं आनी उपरांत लेखन आनी दिग्दर्शनांत ते भितर सरले.

प्रसाद/रश्मी 390

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांनी आज "हर घर उद्यम, हर गांव समरूध्द" मोहीम आनी पीएम सूर्य घर जागृताय कार्यावळ फोंडा हांगच्या राजीव गांधी कला मंदिरात सुरू केली. ह्या कार्यावळी वेळार गोंय राज्य सहकारी बँकेच्या सहकार्यान गोंय राज्य ग्रामीण उदरनिर्वाह मिशनान तयार केल्ली बायलां स्व-मदत गट वांगड्यां खातीर समर्पीत रीण उत्पादन मुख्यमंत्री महिला लखपती निधी योजना सुरू जाली.तशेंच केंद्रीय अर्थीक मजत आनी अतिरिक्त **50** टक्के राज्य अनुदान दिवन गेडा वरवीं चालीक लावपाचो गोंयांतलो पीएम सूर्य घर उपक्रमाचोय ह्या कार्यावळींत आसपाव आशिल्लो.

गोंयभर निवळ उर्जा आपणा वपाक आनी स्वावलंबनशील गांवचे अर्थवेवस्थेक चालना दिवपा खातीर सरकाराचे सतत यत्न सुरू असतात अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी ह्या वेळार उलयतना सांगले.गोंय राज्य वीज पुरवणे खातीर हेर राज्यांचेर आदारून आसा. गोंय स्वावलंबनाच्या मार्गाचेर आसतना वीज निर्मितींत स्वावलंबन जावप गरजेचें. हाचे खातीर हरित उर्जा हें एक उत्कृश्ट साधन आनी हाचे वरवीं आमी वीज निर्मितींत स्वावलंबी जावंक शकतात. तशेंच सौर उर्जे वरवीं वीज तयार करून गोंयांतल्या सुमार एक लाख घरांक स्वावलंबी करप हो सरकाराचो हेत आसा असोय विस्वास तानी उक्तायलो. ही पॅनला बसोवपाक केंद्र तशेचं राज्य सरकाराच्या येवजण्यावरवी विशेश सवलत मेळटा. तशेंच काय प्रमाणात जो खर्च पॅनल बरोवपी नागरीकांक येता तो चार ते पाच वर्साभितर भरुन येता अशे तांणी म्हळा.

आयज बायलो दर एका मळार फुडाकार घेतात आनी आप मजत गटां वरवीं फकत शेतकी मळार न्हय तर दरेक मळार आत्मनिर्भर जावंक शकतात आनी हे खातीर सरकारान मुख्यमंत्री महिला लखपती निधी योजना सुरू केल्या अशे सांगले.

केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक, वीज मंत्री सुधीन ढवलीकर, एन आर आय आयुक्त नरेंद्र सावयकर, फोंडा राजीव गांधी कला मंदिराचे अध्यक्ष रितेश नायक, शेतकी विभाग संचालक संदीप फळदेसाय,

ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नायक हांणी हरित उर्जा ही चळवळ म्हूण आपणावन तातूंत आपलो वांटो दाखोवचो अशें सगळ्यांक आवाहन केलें.

सूर्य घर येवजण समजून घेवन ताचे खाला घरांची नोंदणी करून ताचो फायदो घेवचो अशें आवाहन वीज मंत्री सुधीन ढवलीकार हांणी केलां. हरित ऊर्जा ही काळाची गरज जावन आसा आनी पर्यावरणाची राखण करतना ताचो फायदो स्वतः पैशाच्या माध्यमातून जावंक शकता अशें तांणी सांगलें.

<u>सुभाष 70</u>

कला आनी संस्कृती खात्यान राज्यातल्या धालो मांडांची नोंदणी प्रक्रिया सुरु केल्या. ह्या मांडाच्या नोंदणी खातीर कला खात्यान खासा अर्ज जारी केल्यात ते भरून दिवंचे अशें मांगलां. मांड संस्कृतीचे जतन आनी संवर्धन करपी सरकारी येवजणे वरवी हो वावर हातात घेतला.

<u>रश्मी 40</u>

राज्य वेंचणूक आयोगान गोंयभरांतल्या **7** म्हालातल्या वेगवेगळ्या पंचायतीच्या **14** प्रभागांखातीर पोट -वेंचणुको जाहीर केल्यात. मतदान **8** मार्चाक जातलें, जाल्यार **9** मार्चाक मतां मेजप आनी निकाल जाहीर करतले . प्रत्येक **U**मेदवारांक **40** हजार रूपया मेरेन खर्च करपाची मर्यादा आसतली अशी म्हायती राज्य वेंचणुक आयुक्त मिनिनो डीसौझा हांणी दील्या.

<u>स्पोर्ट्स 20</u>

तामिलनाडूतल्या शोलीन्गुर हांगा जाल्या १२ वर्सा सकयल्या राष्ट्रीय टेनिस बोल क्रीकेट सरतीत गोयच्या चले आणि च्ल्यांच्या पगडाक उप विजेतेपदार समाधान मानचे पडले

<u>वेदर 20</u>

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 21 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.